# गोंय नवी दिल्लीत वेपार मेळाव्यात सहभागी जातले

ता. 8 ऑक्टोबर 2017
17 कार्तिक 1939

नवी दिल्लीच्या प्रगती मैदानाचेर ता. 14 ते 27 नोव्हेंबर 2017 मेरेन जावपी 37 व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात गोंय राज्य सहभागी जातले. ''स्टार्ट अप इंडिया, स्टॅण्ड अप इंडिया'' अशी ह्या वर्साच्या वेपार मेळाव्याची संकल्पना आसा.

प्रत्येक वर्सा गोंय राज्य ह्या मेळाव्यात सहभागी जावन गोंयचे पर्यटन, उद्देग, संस्कृती, सरबराय, गुंतवणूक आनी हेर विकास प्रकल्पांचे प्रदर्शन मांडटा.

ह्या मेळाव्यात माहिती आनी प्रसिध्दी खात्यासयत पर्यटन खाते, हस्तकला, लघू उद्देग, माहिती तंत्रज्ञान आनी गोंय पर्यटन विकास महामंडळ सहभागी जाता.

प्रगती मैदानाचेर 150 चौकण मिटर जागेत गोंयच्या दालनाची उभारणी करतले.